# मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं कृशी अर्थशास्त्रावयल्या राष्ट्रीय परिशदेचे उक्तावण

ता. 5 मे 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज ओल्ड गोवा हांगा डॉ. बाळासाहेब सावंत कोंकण कृशी विद्यापीठ, दापोली आनी महाराष्ट्र सोसायटी ऑफ ॲग्रिकल्चर इकॉनॉमिक्स हांच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या 24 व्या कृशी अर्थशास्त्र 2022 ह्या राष्ट्रीय परिशदेचे केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांच्या उपस्थितीत उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, गोंयांतले अनेक विद्यार्थी देशभरांतल्या विंगड विंगड विद्यापीठांनी शेती, फळबाग, रानालागवड आनी हेर शेती विशयांचे शिक्षण घेतात. हे लक्षात घेवन आमी गोंय विद्यापीठाखाला गोंयांत कृशी महाविद्यालय सुरू करपाचो विचार करतात. तशेंच आनीक एक पावल फुडें वचून कोंकण कृशी विद्यापीठ, दापोली हांच्या वांगडा समजीकाय करार करपाची आमची तयारी आसा. तशेंच आमी गोंयांत कृशी विद्यापीठ स्थापन करपाचोय विचार करपाक शकता, अशें तांणी सांगलें.

केंद्र सरकारन शेतकऱ्यांच्या कल्याणाखातीर सुरू केल्ल्या साबार उपक्रमांची म्हायती दितना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, गोंयांत विशेश उत्पादनांक जीआय टॅगिंग मेळोवन दिवपा खातीर आमचे सतत प्रयत्न चालू आसात. मानकुराद आंब्याखातीर आमी हे आदीच GI टॅगिंग घेतिल्ले आसा. मानकुराद ही गोंयांतली फामाद आनी उत्कृश्ट आंब्याची जात आसा. गोंयच्या काजू फेणीखातीरय आमी जीआय टॅगींग घेतला, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

डॉ. बाळासाहेब सावंत कोंकण कृशी विद्यापीठ, दापोली आनी महाराष्ट्र सोसायटी ऑफ ॲग्रिकल्चर इकॉनॉमिक्स हांणी अशा प्रकारचे संमेलन गोंयांत आयोजीत केल्लेखातीर मुख्यमंत्र्यान तांचे अभिनंदन केले.

केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी म्हणले, शेती वेवसाय हो आमच्या देशाचो कणो आसा. देशातली 65% लोकसंख्या शेतीचेर निंबून आसा आनी त्या खातीर कृशी मळार विकास जावपाची चड गरज आसा, अशेंय तांणी म्हणलें.

अंकोलाच्या डॉ.पंजाबराव देशमुख कृशी विद्यापीठाचे कुलगुरू डॉ.विलास भाळे, महात्मा फुले कृशी विद्यापीठाचे कुलगुरू डॉ.प्रशांत पाटील, एमएसएईचे अध्यक्ष डॉ.प्रकाश महिंद्रे, डॉ.बाळासाहेब सावंत कोकण कृशी विद्यापीठाचे कुलगुरू डॉ. सावंत, गोंय कृशी खात्याचे संचालक डॉ. नेव्हिल अल्फोन्सो; आयसीएआर-सीसीएआरआय गोंयचे संचालक डॉ. प्रवीण कुमार ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

**ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं एमएसएईच्या 24 व्या राष्ट्रीय परिशद पुस्तीकेचे आनी महाराष्ट्र जर्नल ऑफ ॲग्रीकल्चर इकॉनॉमिक्सचे प्रकाशन जाले. तशेंच तांचे हस्तुकीं डॉ. सुधीर वाडकर हांका जीणेगौरव पुरस्कार भेटयलो.**

**श्री.संजय सावंत हांणी निमाणे उपकार मानले.**

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/325

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji